# <u>धावेची परिक्षा आयच्यान सुरू</u>

ता. 28 फेब्रुवारी 2025

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाची धावेची परिक्षा आयच्यान सुरू जाता. धावेची परिक्षा 1 ते 21 मार्च 2025 मेरेन राज्यांतल्या 32 केंद्रांचेर जातली. प्रत्येक दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर परिक्षेक सुरवात जातली. सगळ्या परिक्षा केंद्रावयली बसपाची वेवस्था आनी हेर म्हायती मंडळाच्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. विद्यार्थांनी परिक्षा केंद्रांचेर परिक्षा सुरू जावचे पयली कमीत कमी 45 मिनटा पयली वा 9.00 वरा पयली हजर रावचे. परिक्षा सुरू जावन अर्द वरा उपरांत उसरा आयिल्ल्या उमेदवाराक परिक्षेक बसपाक दिवचे ना.

सगळ्या विद्यार्थ्यांनी मंडळान जारी केल्ली हॉल तिकेट वांगडा हाडची. परिक्षा हॉलांत फकत स्टिकर नाशिल्ली ट्रान्सपरंट उदका बाटली, ट्रान्सपरंट बरोवपाचे पॅड आनी स्वताचे ड्रॉव्हिंग इन्स्ट्रूमेंट पॉवच हाडपाक परवानगी आसतली. उत्तरां बरोवपाक फकत ब्ल्यू बॉल पेन आनी ड्रॉव्हिंग फिगर वा जिओमॅट्रिकल कंन्सट्रक्शना खातीर पेन्सील वापरचो. प्रस्न पत्रिकेचेर आसन क्रमांक बरोवपाक जाय. अनेक पॉकेट्स आशिल्ले कपडे घालचे न्हय. 9297 चलें आनी 9574 चलयों मेळून 18871 विद्यार्थी परिक्षेक बसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/191

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.